# सहकार सप्तकानिमतान साबार कडेन कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 14 नाव्हेंबर 2017
23 कार्तिक 1939

सहकार खात्यान 64व्या अखिल भारत सहकार सप्तकानिमतान राज्यात साबार कडेन कार्यक्रमाचे आयोजन केला. आयज कुर्टी-फोंडेच्या सहकार भवनात उक्तावणाचो कार्यक्रम जालो. भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ऊर्फ सुदीन ढवळीकर, खासदार श्री. नरेंद्र सावयकर, आमदार श्री. रवी नाईक, दुध उत्पादक संघाचे अध्यक्ष श्री. माधव सहकारी, सहकार सचिव श्री.डब्ल्यू व्ही. रमणमुर्ती आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमक हजर आशिल्ले.

फाल्या 15 नोव्हेंबराक कुर्टी-फोंडे हांगा दनपरा 3.00 ते 5.00 मेरेन सहकारी उत्पादक ते ग्राहक विशयाचेर कार्यक्रम जातलो. 16 नोव्हेंबराक शेतकरी सभाघर, पेडणे, हांगा दनपरा 3.00 ते 5.00 मेरेन सहकार विकासाखातीर कायदो. 17 नोव्हेंबराक गोमंत विद्यानिकेतन मडगाव, हांगा दनपरा 3.00 ते 5.00 मेरेन भौशीक खाजगी सहकारी सहभाग, 18 नोव्हेंबराक सहकार भवन कुर्टी-फोडे हांगा सकाळी 10.00 ते दनपरा 1.00 मेरेन सहकार-तंत्रज्ञान जाग्रुती आनी कॅशलेय पेमेंट, 19 नोव्हेंबरा गुरूकुल सभाघर सांगे हांगा दनपरा 3.00 ते 5.00 मेरेन आर्थिकरित्या दुबळ्या घटकांखातीर सहकार आनी 20 नोव्हेंबरा सुंदरम हॉल होंडा सत्तरी हांगा दनपरा 3.00 ते 5.00 मेरेन सहकार-कुशळताय विकासाक म्हत्वाचे ह्या विशयाचेर कार्यक्रम जातले.